आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

प्रादेशिक खबरो

Date :02 /03/2025 7.20 pm

मुखेल खबरो

1 ह्यान फुडें रेंट अ काराक परवाने दिवचे ना, अशी घोशणा राज्य येरादारी संचालनालयान केल्या.

2 कायद्याची अंमलबजावणी करपाची तांक वाडोवपा खातीर गोंय पुलिसांनी तीन नव्या गुन्यांवकारी कायद्याचेर कोंकणींतल्यान प्रशिक्षण अभ्यासक्रम सुरू केल्यात.

3 दोन मतदारांच्या फोटो वळखपत्रांक म्हळ्यार एपिक कार्डक एकूच क्रमांक आसल्यार ती वळखपत्रां बनावट आसल्याचे थारना अशें केंद्रीय वेंचणूक आयोगान स्पश्ट केलां

4 गांवगिऱ्या वाठारांत क्रिकेटीक उर्बा दिवपा खातीर जायत्यो सुविधा उपलब्ध करपाचो सरकाराचो यत्न आसा, आंतरराष्ट्रीय दर्जाचें क्रिकेट स्टेडियम वन दिवचल भागांतूच उबारपाखातीर सरकाराचे यत्न आशिल्ल्याचे मंत्री गोविंद गावडे हाणी सांगला

---------------

गणेश 200

रेंट अ कार खातीर आतां परवाने दिवचे नात

आतां ह्यान फुडें रेंट अ काराक परवाने दिवचे ना, अशी घोशणा राज्य येरादारी संचालनालयान केल्या. रस्ते सुरक्षा, येरादारी कोयंडी आनी नेम पाळप ना हाचे कडेन संबंदीत चिंता लक्षांत घेवन लोकांच्या बऱ्या खातीर हो निर्णय घेतला.

अपघातांत सांपडिल्ल्या वाहनांचो विचार केल्यार भाडेपट्टीचेर घेतिल्ल्या वाहनांचो सगळ्यांत चड वांटो आशिल्ल्याचें दिसून आयलां. पर्यटकांकडल्यान जायते फावट सोऱ्याचे धुंदींत निश्काळजीपणान गाडी चलोवप जाता आनी हाका लागून भिरांकूळ अपघात जातात, अशें येरादारी संचालक परीमल अभिषेक हांणी म्हणलें. राज्य येरादवरी संचालनालयाच्या निर्णयाचे फाटभूंयेर, तांणी एक भौशीक सुचवणी जारी करीत अर्जदारांक रेंट अ कार परवान्यां खातीर कसलेच नवे अर्ज सादर करचे न्हय अशें आवाहन केलां. आता रेंट अ कारीक लागून जरी पर्यटकांक तांचे सोयी प्रमाण जाय थंय, जाय तशें भोंवपाची मेकळीक जरी आसली तरी सोरो वा घुवळे वखदांचे घुवळेंत बेकायदेशीरपणान गाडयो चलयिल्ल्यान जायते फावट अपघात घडिल्ल्यान जायत्या जाणांनी जीव वगडायला. पयशांच्या हांयसान खाजगी वाहनांय भाड्याक दिवपाचें चलन वाडलां. राज्य येरादारी संचालनालयान हाचेर कारवाय करपाक सुरू केल्ल्यान आतां नवीन सुचवण्यो जारी केल्यात. पयलीं असो गुन्यांव करप्यांक १० हजार रुपयांचो दंड करतले. परत परत नेम मोडल्यार आनीक खर दंडाची वसुली करतले.

मजगतीं, अंदू पयल्या दोन म्हयन्यांनी येरादारी नेम मोडिल्ल्या ५०१० रेंट अ कार आनी रेंट अ बायक्सांचेर येरादारी खात्यान कारवाय केल्या. हातूंत १३८१ रेंट अ कॅब आनी ३६२९ रेंट अ बायकांचो आसपाव आसा.

जाण 200

कायद्याची अंमलबजावणी करपाची तांक वाडोवपा खातीर गोंय पुलिसांनी भारतीय न्याय संहिता (बीएनएस), भारतीय नगरीक सुरक्षा संहिता (बीएनएसएस), आनी भारतीय साक्ष अधिनियम (बीएसए) अश्या तीन नव्या गुन्यांवकारी कायद्याचेर कोंकणींतल्यान प्रशिक्षण अभ्यासक्रम सुरू केल्यात. हे अभ्यासक्रम कर्मयोगी पोर्टलाचेर लेगीत उपलब्ध आशिल्ल्यान , कसल्याय संदर्भाखातीर आता कोंकणी

माहिती उपलब्ध जातली.गोंय पुलिसांनी तीन नवे गुन्यांवकारी कायदे चालीक लायल्या उपरांत गुन्यांवकारांक अटक करपांचे आनी तांका ख्यास्त दिवपांचे प्रमाण बरेंच वाडला. १ जुलय २०२४ सावन हे तीन नवे गुन्यांवकारी कायदे लागू जाले. ते उपरांत गोंय पुलिसांनी बीएनएस खाला १ हजार २३२ केशी परतून नोंद केल्यात अशी पुलिसांनी म्हायती दिल्या. २३ प्रकरणांत खटले पुराय जाले आनी न्यायालयांनी निर्णय दिले, जातूंत २१ प्रकरणां दोशी थारली. गोंय पुलीस कर्मचाऱ्यांनी तीन नव्या गुन्यांवकारी कायद्यांविशीं साबार प्रशिक्षण कार्यावळी घेतल्यात आनी हे संबंदी वेगवेगळीं जागृताय सत्रांय चालू आसात अशें ह्या विशिंच्या खबरेंत म्हळां.

वेंचणूक आयोगा

दोन मतदारांच्या फोटो वळखपत्रांक म्हळयार ईपीआयसीक एकूच क्रमांक आसल्यार ती वळखपत्रां बनावट आसल्याचो प्रस्न उप्रासना अशें केंद्रीय वेंचणूक आयोगान स्पश्ट केलां. दोन वेगवेगळ्या राज्यांतल्या दोन मतदारांक एकूच ईपीआयसी क्रमांक दिल्लो अशें कांय माध्यमांनी प्रसारीत जाल्ल्या खबरां उपरांत आयोगान हें जाहीर केलां. एकूच ईपीआयसी क्रमांक आसलो तरी ह्या मतदारांचीं नांवां वेगवेगळ्या राज्यांनी, वेगवेगळ्या विधानसभा मतदारसंघांनी, वेगवेगळ्या मतदान केंद्रांनी नोंद जाल्यांत. मतदार खंयच्याय राज्यांत वा संघराज्यांत मतदार वळेरेंत नोंद जाला जाल्यार ताका फकत आपल्या मतदारसंघांत नियुक्त केल्या मतदान केंद्राचेरच मतदान करु शकता अशें वेंचणूक आयोगान सांगलां. हाचे भायर मतदाराक आपलें मत हेर खंयच दिवंक मेळाना. हाचे पयलीं मतदार नोंदणी प्रक्रिया विकेंद्रीत आशिल्ल्यान अशे क्रमांक दिल्ले आसूं येतात. पूण फुडाराक सगल्या पात्र मतदारांक एकूच ईपीआयसी क्रमांक मेळचो हे खातीर वेंचणूक आयोग वावुरता अशें आयोगान म्हणलां

उपराष्ट्रपती 80

विकसीत भारत आतां सपन नाजाल्यार ते ध्येय आसा आनी हातूंत देशांतल्या तरणाट्यांचो म्हत्वाचो वांटो आसतलो अशें उपराष्ट्रपती जगदीप धनखड हाणी म्हटला. भारतीय विचार केंद्रान आयज तिरुवनंतपुरमांत आयोजीत केल्लें चवथें पी.परमेश्वर स्मारक व्याख्यानमाळेंत ते उलयताले. भारत ही संवसारांतली एकोटी लोकशाय जी गांवगिर्या पावंडयार लेगीत संघटीत आसा अशें तांणी सांगलें. सध्या भारत संवसारांतली पांचवी व्हड अर्थवेवस्था आसा आनी बेगीनूच ती चवथी व्हड अर्थवेवस्था जातली अशें उपराष्ट्रपतीनी म्हळा. अभिव्यक्ती स्वातंत्र्या वांगडाच आमका संवाद आनी विचार ग्रहण करपाचेर लक्ष केंद्रीत करपाक जाय अशें तांणी सांगलें.

गोविंद गावडे 210

गांवगिऱ्या वाठारांत क्रिकेटीक उर्बा दिवपा खातीर जायत्यो सुविधा उपलब्ध करपाचो सरकाराचो यत्न आसा. आंतरराष्ट्रीय दर्जाचें क्रिकेट स्टेडियम दिवचल भागांतूच जावचें (वन- दिवचल) हाचे खातीर म्हजो पयलीं सावनूच यत्न आशिल्ल्यान ते खातीर सेगीत आपणें फाटपुरवण केल्या. ह्यान फुडें ते खातीर आमी विशेश उत्सुकताय दाखयल्या. निश्चीतपणान स्टेडियम दिवचल भागांत उबारपा खातीर आमी यत्न करतात, अशें खेळां मंत्री गोविंद गावडे हांणी सांगलें. भतग्राम महोत्सवा निमतान दिवचले आयिल्ले मंत्री गोविंद गावडे हांकां पत्रकारांनी विचारलें तेन्ना तांणी हे विशीं आपली भुमिका स्पश्ट केली.बीसीसीआयचे समितीचेर रोहन देसाय हांची निवड जावप हें गोंयच्या क्रिकेट मळार म्हत्वाची घडणूक आसा. आपूण ताका विशेश परबीं भेटयतां अशें मंत्री गावडे हांणी सांगलें. रोहन देसाय हांणी क्रिकेटी खातीर व्हड योगदान दिलां. हाका लागून गोंयचे क्रिकेटीक नवी दिका दिवपा खातीर तांचे विशेश यत्न उपेगी थारतले.गांवगिऱ्या

वाठारांत खेळाची प्रतिभा व्हडा प्रमाणांत आसा. ताका चालीक लावपाक विशेश यत्न करप, सुविधा उपलब्ध करप गरजेचें.

हे नदरेन आधुनिक सुविधा उपलब्ध जावप हें आमचें धारण आसा. ताका लागून फाटलीं जायतीं वर्सां यत्न केल्ल्यान राज्यांतल्या कितल्याशाच वाठारांनी खेळां सुविधा दिवपाक सरकाराक येस आयलां.

आंतरराष्ट्रीय दर्जाचें क्रिकेट स्टेडियम दिवचलेच जावचे खातीर फाटल्या कित्याशाच वर्सां सावन विधानसभा आनी हेर माध्यमांतल्यान सेगीत उल्लेख केला. बीसीसीआयचे मुखेल सहकार्य मेळिल्ल्यान निश्चीतपणान वन ह्या गांवगिऱ्या वाठारांत हें स्टेडियम उबारपाचो आमचो संकल्प आशिल्ल्यान ह्या प्रस्तावाक मान्यताय मेळटली असो विस्वास खेळां मंत्री गोविंद गावडे हांणी उक्तायलो.

100

प्रधानमंत्री विश्र्वकर्मा येवजणेखाला गोंयांत ३४ हजार कारागीर नोंद जाल्यात.तांतुतलया ४ हजार जाणानी १८ मळांचेर आपलें प्रशिक्षण पुराय केलां.पुण प्रशिक्षण पुराय केल्ल्यानी रीणाखातीर अर्ज केल्ल्या चार हजार कारागिरां मदलया फकत ११५ जाणाक हे येवजणे खाला रीण मेळ्ळां.सगळ्यांत चड मागणी शिंपी वेवसायांत आसा.ह्या मळार १८ हजार जाणांनी नोंदणी केल्या अशी म्हायती हस्तकला,कापड,आनी कांदो खात्यान दिल्या.प्रधानमंत्री विश्र्वकर्मा येवजणेखाला जे पारंपारीक वेवसाय आसात तांकां उर्बा दिवपा खातीर ह्या वेवसायांतलया मळार सरकार तांकां प्रशिक्षण दिवन तांचें कुशळटाय उदरगतिचेर काम करता.गोंयांत ही येवजण चालीक लावपा खातीर केंद्रान हस्तकला,कापड,आनी कांदो खात्याक नोडल एजंसी म्हण नेमला.हे येवजणेखाला

खातें कारागिरांक प्रशिक्षण,टूल,कीट,१५ हजार मानधन आनी वेवसाय करपाखातीर रीण मंजूर करुन दिता.

90

आदिवासी विद्‌यार्थ्यांनी खातीर धावे आनी बारावेचे यत्तेचें शुल्क भरपाखातीर सरकारान मानून घेतिल्ल्या मुखेलमंत्री शिक्षण सहाय्य येवजणेचो ४१७७ विध्यार्थ्यांक लाव जातलो.मुखेलमंत्री शिक्षण सहाय्य येवजणेखातीर अधिसुचोवणी ज्यारी जाल्या आनी ताका वरसाक ६७.९२लाख रुपया खर्च येतलो.हेर येवजणेचो लाव घेवपी विध्यार्थी हे येवजणेक पात्र थारतले. धावेच्या आदिवासी विध्यार्थ्यांक परीक्षा शुल्काखातीर १५५० रुपया अर्थीक मजत मेळटली.बारावेच्या विध्यार्थ्यांक १७०० रूपया अर्थीक मजत मेळटली.धावेंतलया २०६० आनी बारावेंतल्या २११७ विध्यार्थ्यांक हे येवजणेचो लाव मेळटलो.धावी आनी बारावी मेळून वट्ट ४१७७ विध्यार्थ्यांक हे येवजणेचो लाव मेळटलो.गोंयांत कायमचे रावपी सरकारी शाळा आनी उच्च माध्यमीक शाळांतले विध्यार्थीच हे येवजणे खातीर पात्र थारतले.

सुशांत 80

मडगाव शारांत कार्निव्हाल मिरवणूक चालू

मडगाव : गोय सरकारचे पर्यटन खाते आणि मडगाव नगरपालिका हांच्या जोड पालवान घडोवन हाडील्ली कार्निव्हाल चित्ररथ मिरवणूक मडगाव शारात सध्या चालू आसा. ही मिरवणूक पळोवक हजारांनी लोक जमल्यात. पारंपरिक आणि वेवसायिक अशा दोन गटातले चित्ररथ हे मिरवणूकेंत सामील

जाल्यात. लोकांमदि उमेदिचे वातावरण दिसता.

होली स्पिरीट चर्ची कढल्यान हे मिरवणूकेक सूरवात जाली. पर्यटन मंत्री रोहन खवंटे हाणी तिका सुरवात करून दिली. ह्या वेळार मडगावचे आमदार दिगंबर कामत, नावेलीचे आमदार उल्हास तुयेकार, कुडतरेचे आमदार ॲलेक्स रेजीनाल्ड लॉरेन्स तसेच मडगावचे नगराध्यक्ष दामोदर शिरोडकार हे हाजिर आसले.

आय एमडी 70

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण आज राज्यात उष्ण आणि दमट हवामानासयत सुके हवामान आसा

• पणजीत सर्वाधिक ३६ सेल्सिअस कमाल तापमान नोंद जाला तर मुरगावा किमान २२ सेल्सिअस तापमान नोंद जाला. राज्यात कमाल तापमान 36. डिगरि सेल्सियस तर किमान तापमान 23 डिगरि सेल्सियस आशील्ले. आर्द्रता 50 टक्के आशीलली. पुराय राज्यात वातावरण सुके असतले आनी खासा शिटकावणी ना. दुर्गम भागात उष्ण आणि दमट हवामान उरपाची शक्यता आसा आनी राज्यात ३५-३७ अंश सेल्सिअस कमाल तापमान उरपाची शक्यता आसा

इतल्यान हयो प्रादेशिक खबरो सोपल्या आकाशवाणी पणजीचे मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी सात जावण 25 मिंनटाचेर नमस्कार